२१-०४-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो :

जनसंंपर्क श्रीपाद नायक -

सरकार आनी सामान्य जनता हांचे मजगतीं जनसंपर्क हो म्हत्वाचो भाग. लोकशाही घटमूट करपाक जनसंपर्क गरजेचो. सरकाराची उदरगत, येवजण्यो सामान्य जनते मेरेन पावोवपा खातीर जनसंपर्का बगर पर्याय ना, अशें केंद्रीय उर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नायक हांणी म्हणलें. भारतीय जनसंपर्क मंडळाच्या (पब्लीक रिलेशन्स काव्नसील ऑफ इंडिया) गोंय विभागान गोवा मराठी पत्रकार संघाच्या सहकार्यान आयतारा राष्ट्रीय जनसंपर्क दिसा निमतान कार्यावळीचें आयोजन केल्लें. पणजी - मिरामार जाल्ले कार्यावळींत केंद्रीय उर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नायक हे मुखेल सोयरे म्हणून उलयताले. ह्या वेळार तांचे हस्तुकीं पत्रकारां वांगडा जनसंपर्का वरवीं वेवसायिकांचो भोवमान केलो.

सरकार तशेंच लोकशाय कोणा खातीर आनी कित्या खातीर आसा? सामक्या सामान्य मनशा मेरेन उदरगत तशेंच कल्याणकारी येवजण्यो पावपाक जाय. सामान्य मनशाचें मत, ताच्यो आडखळी सरकारा मेरेन पावपाची गरज आसा. हाका लागून जनसंपर्क हो म्हत्वाचो, अशें तांणी मुखार म्हळे.

खासा आमंत्रीत पत्रकार डॉ. निलेश खरे ह्या वेळार हजर आशिल्ले. जनसंपर्क कसो दवरचो? ही गजाल राजकारण्यां कडल्यान शिकची. मनीस एकठांय करप आनी लाखांनी लोकां मेरेन जनसंपर्क दवरपाची कला राजकारण्यांकूच खबर आसता.तशें नवें तंत्रज्ञान, नव्या घडामोडींची म्हायती हेरां परस राजकारण्यांक चड खबर आसता. आयज जनसंपर्का खातीर जायतीं माध्यमां उपलब्ध आसात. तरी जनसंपर्क कितें आसता? वा जनसंपर्काची तांक कितली आसता हें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीं हांचे कडल्यान शिकपा सारकें आसा, अशें डॉ. खरे हांणी म्हणलें. ह्या वेळार पत्रकार तशेच जनसंंपर्क वाठारात वावर करपी पत्रकारांंचो भोवमान केलो.

निखील वाघ हांणी सगल्यांक येवकार दिलो. दिनेश तारे हांणी सुत्रसंचालन केलें. गोवा मराठी पत्रकार संघाचे अध्यक्ष वामन प्रभू हांणी उपकार मानले.

नागरी सेवा दिसा - २०

१७ व्या नागरी सेवा दिसानिमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लीत नागरी कर्मचाऱ्यांकडेन संवाद सादतले. तशेंच भौशीक प्रशासनांतल्या उत्कृश्टताये खातीर प्रधानमंत्री पुरस्कार लेगित ते  भेटयतले.

पदविका प्रवेश - ११०

पॉलिटेक्नीकाच्या (सरकारी तंत्रनिकेतन) पदविका अभ्यासक्रमाच्या 1063 जागां खातीर आयज सावन अर्ज दिवप तशेच घेवपाची प्रक्रीया सुरू जातली. 30 एप्रील मेरेन अर्ज सादर करपाची मुजत आसा. पदविका अभ्यासक्रमा खातीर ऑफलायन अर्ज स्वीकारतलें.

तांत्रीक शिक्षण संचालनालय (पर्वरी), सरकारी तंत्रनिकेतन (दिवचल), सरकारी तंत्रनिकेतन (कुडचडे), आग्नेल पॉलीटेक्नीक (वेर्णा) आनी शिपबिल्डींग टेक्नोलॉजी (वास्को) हांगा प्रवेशाचे अर्ज उपलब्ध जातलें. प्रवेशाचे अर्ज भरोन हे पयकी एके थळाचेर सादर करपाक हरकत ना. धावी, बारावी आनी आयटीआय केले उपरांत पदविका अभ्यासक्रमा खातीर प्रवेश मेळटा. आल्तिनो, मये - दिवचल, कुडचडे, आग्नेल पॉलीटेक्नीक (वेर्णा), आयएसबीटी (वास्को), फार्मसी म्हाविद्यालय (पणजी) हांंगा पदविका अभ्यासक्रम उपलब्ध आसा. सगळ्या पॉलीटेक्नीकानी मेळोन 1063 जागे उपलब्ध आसा. सीव्हील, मेकॅनिकल, इलेक्ट्रीकल, इलेक्ट्रॉनिक्स, फ्रब्रीकेशन टेक्नोलॉजी, फार्मसी, फूड टेक्नोलॉजी, गार्मेंट टेक्नोलॉजी हे विशयात पदविका अभ्यासक्रम उपलब्ध आसा.

आयपीएल - १२०

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमात जाल्ल्या खेळात मुंबय इंडीयन्स पंगडान चेन्नय सुपरिंग्स पंगडाक ९ गड्यांनी हारयले. मुंबय इंडियन्स पंगडान कुरुबावलो जिकून पयली गोलंदाजी करपाचो निर्णय

घेतलो. चेन्नई सुपर किंग्ज पंगडान निर्धारीत २० शटकात ५ बाद १७६ धावंड्यो केल्यो. चेन्नय पंगडान दिल्ले १७७ धावंड्यांचे मोख मुंबई इंडियन्स पंगडान १५.४ शटकात एकूच गडो वगडावन पूराय केले.

ते आदी, चंदीगडात जाल्ल्या आनीक एका खेळात, रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरू पंगडान पंजाब किंग्जचा पंगडाक ७ गड्यांनी हारयले. पंजाब किंग्ज पंगडान निर्धारित २० षटकांत ६ बाद १५७ धावंड्यो केल्ल्यो. उपरांत आरसीबी पंगडान १९ व्या षटकात पंजाब पंगडान दिल्ले १५८ धावंड्यांचे मोख हुंपले.

आयज कोलकाता नाईट रायडर्स पंगड गुजरात टायटन्स पंगडा आड खेळतलो. कोलकाताच्या ईडन गार्डन्स मैदानाचेर सांजे ७.३०क हो खेळ जातलो.

हवामान - 50

फाटल्या कांय दिसा सावन राज्यात उश्णताय वाडत आसा. राज्यातले उण्यात उणे तापमानूंय वाडला. पणजेत उण्यात उणे तापमान २६.४ अंश जाल्यार चडान चड तापमान ३४.४ अंश सेल्सीअस नोंद जाला. फुडले ५ दिस राज्यातले उण्यात उणे तापमान २६ते २४ अंश जाल्यार चडान चड तापमान ३५ ते ३६ अंश सेल्सीअस मदी उरपाची शक्यताय आसा.